**एसटी/एससी समाजातल्या गुणेस्त विद्यार्थ्यांक फुकट लॅपटॉप दिवपा खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 6 सप्टेंबर 2023

म्हायती तंत्रज्ञान, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी कम्युनिकेशन संचालनालय गोंय इन्फो टॅक म्हामंडळा मार्फत 2022-2023 वर्साच्या शिक्षणीक वर्सा खातीर गोंयच्या दर एक तालुक्यातल्यान यत्ता 10 वीच्या वर्गाच्या अनुसुचीत जमातीतल्या (एसटी) 10 गुणेस्त विद्यार्थ्यांक (5 चले आनी 5 चलयो) आनी अनुसुचीत जातीतल्या (एससी) 10 गुणेस्त विद्यार्थ्यांक (5 चले आनी 5 चलयो) फुकट लॅपटॉप दितले.

येवजणे विशीं चड म्हायती खातीर https://infotech.goa.gov.in. ह्या व्हेबसायटीर भेट दिवची. पात्रताय निकश पुरण करपी विद्यार्थ्यांनी विहित नमुन्यातल्यान https://infotech.goa.gov.in. ह्या व्हेबसायटीचेर ऑनलायन अर्ज करचे. ऑनलायन अर्ज करपाची निमाणी तारीख 5 ऑक्टोबर 2023 सांजेची 5.00 वरांमेरेन आसा.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/702

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.